**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक ईस्टराची परबीं**

ता. 16 एप्रिल 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक आनी खास करून क्रिस्तांव भावांक ईस्टराची काळजासावन परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, ह्या पवित्र दिसा जेजू क्रिस्ताचे खुरसार मारले उपरांत तीसऱ्या दिसा पुनर्जीवन जाले. ईस्टराचो संदेश सगळ्या मनीस जातीक जीवन आनी आशेचो संदेश आसा. जेजू क्रिस्तान आमकां देवाचेर आनी मानवजातीचेर मोग करपाक शिकयले. तांची शिकवण आयच्या संवसारात लेगीत म्हत्वाची आसा.

हो सण आमकां भावपण, मोग, दया आनी भोगसणेचो संदेश दिता. ईश्वराच्या आदर्श तत्वांचे आमी आचरण करूया, जेणे करून हो संवसार जीणेखातीर बरें स्थळ जातलें

ह्या ईस्टराक जेजू क्रिस्ताच्या पुनर्जीवनाची खुशालकाय मनयताना आमी सगळ्यांनी सुरक्षा शिश्टाचारांक पाळो दिवया. ह्या वर्साची ईस्टर परब प्रत्येकाच्या जीणेत चड शांतीकाय आनी खुशालकाय घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/259

Issued by Department of Information & Publicity

3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji